# <u>वेपार नियमन प्रगतीचेर परिसंवाद जालो</u>

ता. 25 फेब्रुवारी 2020

भारतीय फार्मास्युटिकल निर्यात प्रोत्साहन मंडळान अन्न आनी वखदां प्रशासन आनी CDSCO च्या जोड पालवान आयोजीत वेपार नियमन प्रगतीवयल्या परिसंवादाचे आयज पणजे भलायकी सचिव श्रीमती निला मोहनन हांचे हस्तुकीं उकतावण जाले.

भारतीय फार्मास्युटिकल निर्यात प्रोत्साहन मंडळ हे केंद्र सरकाराच्या वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान  फार्मास्युटिकल आनी संबंदीत उत्पादनांच्या निर्यातीक प्रोत्साहन दिवपा खातीर स्थापन केल्ली संस्था आसा. भारतीय फार्मास्युटिकल निर्यात प्रोत्साहन मंडळ संबंदीत उद्देग आनी सरकारी यंत्रणांक निर्यात धोरण उपाय करपाक मदत करता.

परिसंवादाच्या  उकतावण कार्यक्रमात उलयताना श्रीमती निला मोहनन हांणी नियमन वेपार क्षेत्रातल्या प्रगतीच्या माहितीचे दिवपघेवप करपाक अशा परिसंवादांचे आयोजन महत्वाचे आशिल्ल्याचे सांगून  फार्मास्युटिकल उद्देगाच्या स्पर्धात्मक क्षेत्रातली कुशळताय वाडोवपाची संद आशिल्ल्याचे म्हणले.

शिक्षणीक संस्थां आनी उद्देगांमदी समन्वय राखून उद्देगांक लागपी कुशळतायेचो प्रस्न सोडोवपाची गरजय श्रीमती मोहनन हांणी ह्या वेळार उकतायली. देशाच्या उद्देगीक उदरगतीक फार्मास्युटिकल उद्देगाचे महत्वाचे योगदान आशिल्ल्याचेय तीणे म्हणले.

अन्न आनी वखदां प्रशासन खात्याच्यो संचालक श्रीमती ज्योती सरदेसाय हांणी देशात वेपार उद्देगाच्या मळार अनेक आव्हांनां आशिल्ल्याचे सांगून अशा परिसंवादातल्या चर्चेतल्यान आनी अणभव माहितीचे दिवपघेवप करून ती सोडवप शक्य आशिल्ल्याचे म्हणले.

डॉ. रूबीना बोस हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

सुरवातीक भारतीय फार्मास्युटिकल निर्यात प्रोत्साहन मंडळाचे डीजी श्री रवी उदय भास्कर हांणी येवकाराचे उलवप केले. श्रीमती लक्ष्मी प्रसन्ना हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमणे उपकार मानले.

उपरांत परिसंवादाची वेगवेगळी तांत्रिकी सत्रां जाली. परिसंवादात उद्देग, शिक्षण संस्थां आनी नियमन संस्थांचे वट्ट 150 प्रतिनिधी सहभागी जाल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/175

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA